# मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 19 ऑक्टोबर 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक परबीं भेटयल्या आनी दिवाळीचो सण प्रत्येक नागरिकाच्या जीणेत खुशालकाय आनी समृध्दी घेवन येव, अशी प्रार्थना केल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा "दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार हांव सगळ्यांक उर्बेभरीत परबीं दिता. दिवाळी हो उत्साहपूर्ण सण, जो उजवाडान काळखाचेर आनी सद्‌गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. रावणाचो वध करून श्रीराम ह्या दिसा अयोध्येत परतलो. जनतेन दिव्यांची रोशणाय करून श्रीरामाक येवकार दिलो.

दिवाळीचो उत्सव समाजात शांतीकाय, भावपण आनी जातीय सलोखो वाडोवपाक लोकांक उर्बा दिता. हो सण सगळ्यांक काळखातल्यान उजवाडाकडेन वाटचाल करपाची वाट दाखयता. दिव्यांचो उजवाड लोकांच्या जीणेतलो काळोख पयस करता.

दिवाळीचो सण मनयतना आमी राज्याच्या कोनशा-कोनशाक गिन्नानाचो उजवाड पसरावया. "आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय" चे उद्दीश्ट पुराय करपा खातीर लोकांनी थळावीं उत्पादनां खरेदी करपाक प्राधान्य दिवचे आनी राज्याच्या उदरगतीक हातभार लावचो.

दिवाळीचो सण मनयतना आमी पर्यावरणपुरक उत्पादनाचो वापर करूया आनी उत्सव सुरक्षीत आनी प्रदुशणमुक्त करूया. दिवाळीचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत नवी ऊर्जा आनी खुशालकाय घेवन येव. एकवटाच्या भावनेन दिवाळीच्या उजवाडान लोकांची मनां-काळजां प्रकाशमान जाव , अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/825

--

----------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.